29 January 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- भारतीय अंतराळ संशोधन संस्थेन (इसरो) आयज श्रीहरिकोटातल्यान, नवे पिळगेचो उपगिरो, एन.व्ही.एस - 2, यशस्वीपणान प्रक्षेपित केलो.
- आयज नवी दिल्लीच्या विजय चौकांत, बीटिंग रिट्रीट सुवाळो आयोजित जातलो.
- वेंचणूक आयोगान, आम आदमी पक्षाचे संयोजक अरविंद केजरीवाल हांचेकडेन, यमुना न्हंयेत विखारी पदार्थ आशील्ल्याच्या आरोपाविशीं, पुरावो मागला.
- प्रयागराजांत मौनी अमावस्या निमतान, महाकुंभाचें दुसरें अमृत स्नान, सुरू आसा.
- जसप्रीत बुमराह हाका, २०२४वर्साचो आयसीसी क्रिकेटर म्हण, भौमानीत केला.

ISRO - 60

भारतीय अंतराळ संशोधन संस्थेन (इसरो ) आयज आंध्र प्रदेशांतल्या, श्रीहरिकोटातल्यान आपलो नवे पिळगेचो उपगिरो, एनव्हीएस - 02, यशस्वीपणान प्रक्षेपित केलो. एनव्हीएस-02 व्हरपी, जिओ-सिंक्रोनस सॅटेलाइट प्रक्षेपण वाहन, आयज सकाळीं 6 जावन 23 वरांचेर प्रक्षेपित जाले. श्रीहरिकोटा हांगाच्या, सतीश धवन अंतराळ केंद्रांवेल्यान शंबरव्या प्रक्षेपणाचो उगडास करपा खातीर, इसरो खातीर हे प्रक्षेपण म्हळ्यार, एक उल्लेखनीय मार्गदर्शक थारता.

बीटिंग रिट्रीट -

प्रजासत्ताक दीस उत्सवाचो एक भाग म्हूण, आयज नवी दिल्लीच्या विजय चौकांत, बीटिंग रिट्रीट सुवाळो जातलो. ह्या वेळार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उप राष्ट्रपती जगदीप धनखर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी हेर केंद्रीय मंत्री हाजीर आसतले. अंदूं बीटींग रिट्रीट सुवाळ्यांत, वट्ट 30 सादरीकरणांनी लश्करी, नौदल, वायुसेना आनी केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळाच्या बँड संगीतान, प्रेक्षकांक मंत्रमुग्ध करतले. दिल्ली पुलिसांनी बीटिंग द रिट्रीट सुवाळ्याक लागून येरादारीची विस्तारान वेवस्था केल्या. येरादारी सल्लागार प्रमाण विजय चौक आयज दनपारां 2 ते 9:30 मेरेन सामान्य येरादारी खातीर बंद उरतलो.

आप तक्रार -

आम आदमी पक्षाचे निमंत्रक अरविंद केजरीवाल हाणी मुलाखती वेळार, यमुना न्हंयेक विखारी पदार्थ आशील्ल्याचो आरोप करून, भाजपा आनी काँग्रेसीन केल्ल्या कागाळीं संबंदी, वेंचणूक आयोगान तांका नोटीस जारी केल्या. आयज सांजे 8 वरां मेरेन आपल्या कागाळीं विशीं, पुराव्याच्या आदारान प्रतिसाद दिवचो, अशें आयोगान केजरीवाल हांकां सांगलां. तशेंच दिल्ली जल मंडळाच्या अहवालांत, यमुनां न्हयेंत खंयच्याच विखारी पदार्थाचो उल्लेख नाशिल्ल्याचें आयोगान सांगलें.

Mahakumbh -

उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत मौनी अमावस्या निमतान महाकुंभाचें दुसरें अमृत स्नान सुरू आसा. संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो धर्मीक मेळावो म्हूण

मान्यताय मेळिल्ली महाकुंभ मेला 13 जानेवारीक सुरू जालो  आनी पयले अमृत स्नान 14 जानेवारीक मकर संक्रांतीक जालें . महानिर्वाणी पंचायती आखारा आनी शंभू पंचायती अटल आखारा हो आयज सकाळीं त्रिवेणी संगमांत पवित्र बुडटी घेवपी पयलो आखारो  आसतलो. उत्तर प्रदेश सरकारान  घटमूट सुरक्षा येवजण चालीक लायल्या आनी महाकुंभांतल्या मेला वाठाराक वाहन आनी व्हीआयपी झोन ना अशें थारायलां. आणीबाणीच्या वेळार भक्तांक मजत करपा खातीर राज्य आनी केंद्रीय पुलीस, येरादारी पुलीस, आनी खाशेले दोतोर हांचो आस्पाव आशिल्लो  पंगड 24 वरां उपस्तिथ आसतलो.

दिल्ली मोहिम -

फुडल्या म्हयन्याच्या 5 तारखेक जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर, दिल्ली तयारी करता आसतना, सगळ्या मुखेल राजकी पक्षांच्या फुडाऱ्यांनी, मतदारांक आकर्षित करपाचे यत्न, चड खर केल्यात. रॅली आनी रोडशो ते दारांत दारांत प्रचार करपा मेरेन भाजपा, आम आदमी पार्टी, काँग्रेसीचे नामनेचे फुडारी, आपल्या उमेदवारांच्या फायद्या खातीर मतदारांकडेन, सक्रीयपणान वावुरतात. शाहदरा विधानसभा मतदारसंघांतल्या, करतार नगरांत आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी रॅली घेवपाची शक्यताय आसा. दुसरे वटेन आम आदमी पक्षाचे राष्ट्रीय निमंत्रक आनी दिल्लीचे आदले मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवाल आयज सांजे, बादली आनी तिमारपूर मतदारसंघातल्या, भौशीक मेळाव्यांक संबोधन करतले. मजगतीं, काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी जयराम रमेश आनी देवेंद्र यादव, काँग्रेसीचें घोशणापत्र जाहीर करपाचे आसात.

Punjab Ambedkar -

समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण राज्यमंत्री रामदास आठवले 26 जानेवारीक राष्ट्र प्रजासत्ताक दीस मनयतना बाबासाहेब भीम राव आंबेडकराच्या पुतळ्याक जाल्लें लुकसाणाची पळोवणी करपाक आयज अमृतसराचा दौऱ्यात असतले . ह्या लज्जास्पद कृतीक लागून पंजाबांत बोवाळ निर्माण जालो आनी ताचो परिणाम म्हूण वेगवेगळ्या संघटनांनी पंजाब बंदाचो उलो मारलो. जायत्या जिल्हयांतल्या भाजप फुडाऱ्यांचो आनी बाजार समित्यांचो तेंको मेळ्ळो . पुतळ्याची तोडफोड करपाक जापसालदार आशिल्ल्या मनशाक रोखडेंच अटक करून ताका पुलिसांच्या ताब्यांत दवरलो तरी राज्यांतल्या सध्याच्या कायदो आनी सुवेवस्थेचे परिस्थितीचेर वेगवेगळ्या राजकी पक्षांच्या विरोधी फुडाऱ्यांनी ह्या प्रकरणांत व्हड प्रमाणांत निशेध केलो.

पीएम -

उत्तराखंडाची राजधानी देहरादूनांत, काल सांजे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 38साव्या राष्ट्रीय खेळां सर्तीचें उक्तावण केलें. देशभरांतल्या खेळगड्यांनी एकचार दाखोवपी, खेळगड्यांच्या परेडांत, वांटो घेतलो. ऑलिंपियन लक्ष्य सेन हांणी, राष्ट्रीय खेळां सर्तीची मशाल तेजस्विनी, ही प्रधानमंत्री मोदी हांका भेटयली.

Telangana Eco- Tourism -

तेलंगणाचे मुखेलमंत्री रेवंत रेड्डी हांणी राज्यांतल्या पर्यावरण पर्यटन, देउळ पर्यटन आनी वैजकी पर्यटनाची उदरगत करपा खातीर सरकाराच्या वचनबद्धतेचेर भर दिवन एक्सपीरियम पार्काचें उक्तावण केलां. तांणी राज्याच्या सैमीक आनी सांस्कृतीक दायजाचेर भर दिलो आनी एक व्यापक पर्यटन धोरण सुरू करपाची येवजण जाहीर केली. इको टूरिझम पार्क सुरू जाल्ल्यान खोशी उक्तायतना तांणी सांगलें कि , हे पार्क टिकावू पर्यटनाक चालना दिवपाचे दिकेन एक पावल आसा. सरकार फकत आयटी आनी फार्मा उदरगतीचेर न्हय

तर पर्यटनाचेरूय लक्ष केंद्रीत करता, जातूंत अफाट तांक आसा अशें तांणी सांगलें. तेलंगना हांगा रामप्पा देवूळ आनी हजार खांब्याचें देवूळ सारकिले वास्तुशिल्पाचे अद्भुत तशेंच नल्लामाला रानां सारकिले सैमीक अद्भुत आसात अशें सांगून पर्यावरण पर्यटना वांगडाच देवळ पर्यटनाक चालना दिवपाची गरज आसा अशें मुख्यमंत्र्यान भर दिलो. देवळां आनी रान वाठारांक भेट दिवपाक जायते लोक हेर राज्यांनी वतात अशें सांगून तेलंगना कडेन पर्यटनाचे मुखेल गंतव्य जावपाची साधनां आसात अशें मुख्यमंत्र्यान स्पश्ट केलें.

Canada Interference -

कॅनडांतल्या हस्तक्षेपाक लागून जाल्ल्या कथित कार्यावळींचो दावो करपी कॅनडांतल्या अहवालाक भारतान न्हयकारला. विदेश वेव्हार मंत्रालयान हे आरोप न्हयकारले आनी खरेपणीं भारताच्या अंतर्गत वेव्हारांत सातत्यान हस्तक्षेप करपी कॅनडाच आसा अशें सांगलां. अशा हस्तक्षेपाक लागून बेकायदेशीर स्थलांतर आनी संघटीत गुन्यांवकारी कार्यावळींचेंय वातावरण तयार जालां अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान फुडें नदरेक हाडलें. बेकायदेशीर स्थलांतर करपाक सक्षम करपी आदार प्रणालीक आनीक तोंड दिवचें ना अशे भारता विशीं अहवालांतल्या सुचोवण्यांक न्हयकार दितना विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलें .

बुमरा बेस्ट क्रिकेट -

जसप्रीत बुमराहाक आयसीसी मेन्स क्रिकेटर ऑफ द ईयर 2024 खातीर प्रतिश्ठीत सर गारफील्ड सोबर्स ट्रॉफी दिवन भोवमान केला. राहुल द्रविड (2004), सचिन तेंदुलकर (2010), रविचंद्रन अश्विन (2016), आनी विराट कोहली (2017, 2018) हांचो आस्पाव आशिल्ल्या भारतीय क्रिकेट खेळगड्यांची एलिट वळेरेंत सामील जावन बुमरा हो पुरस्कार मेळोवपी पयलो भारतीय पेसर जाला. अमेरिकेंत आनी वेस्ट इंडीजांत जाल्ल्या 2024 वर्सा भारताच्या टी-20 विश्वचषक जैतांत बुमराहाचो म्हत्वाचो वांटो आशिल्लो. कसोटी क्रिकेटांत

बुमराहाचें  वर्चस्व आशिल्लें, ताणें 13 मॅचींनी 71 विकेटी घेतल्यो, जी 2024 वर्सा खंयच्याय गोलंदाजान घेतिल्ली सगळ्यांत चड विकेटी आशिल्लें.

Handball -

आडतीसाव्या राष्ट्रीय खेळां सर्तींतल्या बीच हँडबॉल लीग मॅचींचो दुसरो दीस 28 जानेवारीक तेहरीच्या रेंवटी दर्यादेगेर सुरू जालो. ह्या  सर्तींत , दादले आनी बायलां पंगडानी  दोनूय विभागांत उत्कृश्ट वैयक्तीक कामगिरी दाखयली आनी हातूंतल्यान खेळगड्यांची कुशळटाय दिसून आयलें. दादल्यांचा पूल बी गटांत गोंयाक आंध्र प्रदेशान 10-13 आनी 18-19 अशा गूणांनी हारयले . बायलांच्या पूल बी गटांत अस्तंत बंगालान गोंया आड 17-3 आनी 14-9 अशे गूण मेळोवन प्रभावी जैत मेळयलें.

IMD -

भारतीय  हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, उप हिमालय, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगा  दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला . उत्तर प्रदेश,  अस्तंत बंगाल,  ओडिशा आनी बिहारांतल्या एकसुरे खिशांनीय फुडल्या 2-3 दिसां खातीर अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. हवामान विभागाच्या  म्हणण्या प्रमाण फुडले दोन दीस अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयात  गडगड वादळा वांगडा हलको  ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडल्या चार दिसांत वायव्य, मध्य आनी उदेंत भारतात  तापमान 2-4 अंश सेल्सियस वाडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला

परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- भारतीय अंतराळ संशोधन संस्थेन (इसरो) आयज श्रीहरिकोटातल्यान, नवे पिळगेचो उपगिरो, एन.व्ही.एस - 2, यशस्वीपणान प्रक्षेपित केलो.
- आयज नवी दिल्लीच्या विजय चौकांत, बीटिंग रिट्रीट सुवाळो आयोजित जातलो.
- वेचणूक आयोगान, आम आदमी पक्षाचे संयोजक अरविंद केजरीवाल हांचेकडेन, यमुना न्हंयेत विखारी पदार्थ आशील्ल्याच्या आरोपाविशीं, पुरावो मागला.
- प्रयागराजांत मौनी अमावस्या निमतान, महाकुंभाचें दुसरें अमृत स्नान, सुरू आसा.
- जसप्रीत बुमराह हाका, २०२४वर्साचो आयसीसी क्रिकेटर म्हण, भौमानीत केला.

नमस्कार